21/10/2025 7.20 pm

- फिडे वर्ल्ड कपाचो लोगो आनी anthem song launch आज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला
- फाल्यां फातोर्डाच्या जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमांर एफसी गोवा आनी अल नासर एफसी हांचे मदीं एएफसी लीग मॅची जातली
- देशव्यापी "तुमचे पयशे, तुमचे हक्क" मोहिमे खाला नागरिकांक हक्क नाशील्या वित्तीय मालमत्तेर दावो करपाक मदत करुक राज्यस्तरीय बँकर्स समिती गोयात शिबिरा आयोजित करतले
- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी या महिन्याच्या २६ तारखेक आकाशवाणीवेल्या मन की बात कार्यक्रमात देश आणि परदेशातल्या लोकांवांगडा आपले विचार मांडतले

Rashmi 220

बुध्दीबळ हो सगळ्या खेळाचो राजा अशे म्हणटात. एकाग्रता आनी केंद्रित मनस्थितीत व्हरपी हो खेळ फकत एक बरो खेळगडोच न्ही जाल्यार ताचे वरवी एक बरो फुडारी करपी,रणनीती आशिल्लो फुडारी घडटा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ह्या खेळाचे महत्व लक्षात घेंवन गोंयच्या विद्यार्थ्यांक शाळांनी आनी म्हाविद्यालयांनी लेगीत बुध्दीबळ शिकयतात अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. फिडे वर्ल्ड कपाचो लोगो आनी anthem song launch सुवाळ्या वेळार मुखेलमंत्री उलयले.

ह्यावेळार गोंय राज्याचे मुख्य सचिव वी . कान्दावेलु, खेळा मंत्री रमेश तवडकार, ओल इंडींया चेस फेडरेशनाचे अध्यक्ष नितीन नारंग, सचिव देव पटेल, गोंय चेस फेडरेशनाचे अध्यक्ष महेश कांदोळकार गोंय खेळा प्राधिकारणाचे संचालक दोतोर अजय गावडे हाजीर आशिल्ले.

गोंयात आता राश्ट्रीय तशेंच आंतरराश्ट्रीय पावड्यावेले नामनेचे कार्यक्रम जावपाक लागल्यात. फीडे चेस वल्ड कप 2025 ही आंतरराश्ट्रीय पावंड्यावेली खेळाची सर्त गोंयात आयोजित केल्यान गोंय सराकारा वतीन आयोजकांचे खेला मंत्री रमेश तवडकार हांणी उपकार मानल्यात. Byte- ramesh tawadka

फीडे चेस वल्ड कप 2025 गोंयांत 31 ओक्टोबर ते 17 नोव्हेबंर ह्या काळात जाता.2002 वर्सा उपरांत आता भारतात ही सर्त वट्ट 23 वर्सा उपरांत जाता. उत्तर गोंयांतल्या बार्देश म्हालातल्या हडफडे गावातल्या रिओ ह्या रिर्सोटान ह्या सर्तीचे आयोजन केला. ह्या सर्तीत 82 देशातले 206 खेळगडी वाटो घेतले.

ह्या सर्तीत नामनेचे बुद्‌दीबळ खेळगडे गुकेश डी, अर्जुन एरीगसी, अनिश गिरी, वेसली सो, विन्सेन्ट केमर , हेन्स नियमेन, फोस्टीनो ओरो तशेचं हेर खेळगडे वाटो घेतले. फीडे चेस वल्ड कप 2025 चे एन्थम गीत नामनेचे गायक दलेर मेंहदी हांणी गायला.

सुशांत 120

फाल्यां फातोर्डाच्या जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमांर  एफसी गोवा आनी अल नासर एफसी हांचे मदीं जावपी एएफसी लीग मॅची खातीर पुलिसांची खर सुरक्षा आसतली.दक्षिण गोंयचे पुलीस अधीक्षक हरीश मडकईकार हांणी ही माहिती दिली. आयज ताणी स्टेडियम वाठारांत हे सुरक्षेची रंगीत तालीम घेतली. फाल्यां जावपी मॅची खातीर दक्षिण गोंयच्या सुमार 650 पुलीसांची नेमणूक केल्या आनी येरादारी नियंत्रणा खातीर येरादारी खात्याचे अतिरिक्त पुलीस तैनात करतले अशी म्हायती मडकईकार हाणी दिली. मजगतीं, हे मॅचीचे नियोजन बरे भशेन करपा खातीर दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी एगना क्लिटस हाणी आयज आदेश जारी करून फाल्यां दनपारां 12 उपरांत स्टेडियमांकडेन वचपी सगळे रस्ते येरादारी खातीर बंद करपाचो आदेश दिला. मॅची सोंपमेरेन हे निर्बंध लागू आसतले अशें म्हणलां. ह्या निर्बंध काळांत हो रस्तो फकत व्हीआयपी आनी व्हीव्हीआयपी पास धारकांक आनी थळावे पास जारी केल्ल्या थळाव्या लोका खातीर उक्तो आसतलो.

उजो 60

दिवाळेच्या आदल्या दिसा सत्तरींत नरकासूर महोत्सवा वेळार मोठ्यान संगीत वाजयता अशी कागाळ आयिल्ल्यान तणाव जाल्याच्या फाट भूयेर पुलीस अधिकाऱ्यांक खर कारवाय करून हातूंत आस्पाव आशिल्ल्यांक अटक करपाचो आदेश दिला अशें मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.अशो घडणुको करपी, आनी तें पुलीस चौकी लागसार, तांका ओगी रावचे नात अशें मुख्यमंत्र्यान

सांगलें.कागाळदारान आपले गाडयेक उजो लायिल्ल्याचो बदलो म्हणून लोकांनी होंडा पुलीस चौकीचेर हल्लो केलो.

डेस्क 110

अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हाणी 4 ऑक्टोबराक गुजरातांत सुरू केल्ल्या देशव्यापी "तुमचे पयशे, तुमचे हक्क" मोहिमे खाला नागरिकांक हक्क नाशील्ल्या वित्तीय मालमत्तेर दावो  करपाक मदत करुक राज्यस्तरीय बँकर्स समिती (SLBC) गोयात शिबिरा आयोजित करतले. ऑक्टोबर ते डिसेंबर मेरेन चलपी हे मोहिमेक लोकांक कालबाह्य गेल्ल्या नोंदींक लागून निष्क्रिय दावो नाशिल्लीं ठेवी, विमा रकम , लाभांश, शेअर आनी म्युच्युअल फंड वसूल करपाक मजत करपाचो हेतू आसा. नागरिकांक आधार, पॅन सारकिले केवायसी कागदपत्रां आनी फोटो घेवन आपल्या बँक शाखेक भेट दिवन स्वताचें वा मरण आयिल्या नात्यांतल्या लोकांचें खातें परतून सक्रिय करपाक वा ठेवी दावो करपाक प्रोत्साहन दितात. राष्ट्रीय पांवड्यार ह्या उपक्रमाचें फुडारपण अर्थीक सेवा खातें करता, RBI, SEBI, IRDAI, PFRDA आणि IEPFA हांचे समन्वयान हे घडोवन हाडतात

सुभाष 70

शिक्षित तरनाट्यांनी गोंय लोकसेवा आयोगाच्यो परीक्षा उत्तीर्ण जावन राज्य सरकारी नोकऱ्यो मेळावच्यो अशें आवाहन जी. पी. एस. सी. न केलां. राज्य सरकाराचें 'अ 'आनी 'ब ' गट अधिकाऱ्यांची नेमणूक आनी बडटी दिवपाचे काम जी. पी. एस. सी. करता. ह्यो नेमणूको आनी बडट्यो पारदर्शी पद्धतीन गुणांचेर आदारीत जाता अशें जी. पी. एस. सी.न सांगला. सगळ्या थळाव्या दिसाळ्यांनी तशेंच gpsc.goa.gov.in ह्या संकेतथळार दर म्हयन्याच्या दुसऱ्या शक्रारा पदा भरपाखातीच्यो जाहिराती प्रसिद्ध जातात अशें जी. पी. एस. सी. न कळीत केलां.

सुभाष 80

काणकोण - श्रीस्थळ जैवविविधताय वेवस्थापन समितीन ग्लोबल वेस्ट मॅनेजमेंट कंपनीच्या सहकार्यान श्रीस्थल पंचायत कार्यालया लागसार ई-वेस्ट कलेक्शन ड्रायव्ह घडोवन हाडली. इलॅक्ट्रॉनीक कोयराची अयोग्य विलो लावपाक लागून पर्यावरण आनी भलायकेक जावपी धोक्यां विशीं जागृताय करपाचो हेतू

आशिल्लो. ई-कोयराच्या शास्त्रीय रितीन वेवस्थापन करूंक ना जाल्यार भलायकेचेर गंभीर परिणाम जावंक शकता अशा विखारी परिणामां विशीं नागरिकांक म्हायती दिली. जागतीक कोयर वेवस्थापन प्रणालीचें प्रतिनिधित्व करपी सोहम प्रभु हांणी ह्या मोहिमेच्या उद्दिश्टांचो तपशील दिलो आनी फुडाराक जागृताय आनी एकठांय करपाच्या उपक्रमांक आदार दिवपाची खात्री दिली.

पोलिस 40

आयज पोलीस स्मृतिदिस पाळतात १९५९ त लडाखातल्या हॉट स्प्रिंग्ज हांगा सशस्त्र चिनी सैन्यान केल्या हल्ल्यात धा शूर पोलिसांनी आपले प्राण वगडायल्ले. तेन्ना सावन, दर वर्सा २१ ऑक्टोबर हो पोलीस स्मृतिदिस म्हण पाळटात. उपराष्ट्रपती सीपी राधाकृष्णन, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आनी संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी तांच्या सर्वोच्च बलिदानाचे स्मरण केले.

ट्विट सी एम 50

१९५१ वर्साच्या आजच्या दिसा भारतीय जनसंघाची थापणूक जाली जाका लागून एकवट, प्रामाणीकपण आनी स्वावलंबनाच्या आदर्शांक समर्पीत राश्ट्रवादी चळवळ सुरू जाली. ज्यांनी ही मजबूत वैचारीक बुन्याद घाली, पिळग्यांक भक्ती आनी एका उद्देशान राष्ट्राची सेवा करपाची प्रेरणा दिली अशा दूरदर्शी आणि देशभक्तांक भावपूर्ण श्रद्धांजली अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हानी सोशल मीडिया पोस्टात म्हणला.

मन की 65

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी या महिन्याच्या २६ तारखेक आकाशवाणीवेल्या मन की बात कार्यक्रमात देश आणि परदेशातल्या लोकांवांगडा आपले विचार मांडतले मासिक रेडिओ कार्यक्रमाचो हो १२७ वो भाग . लोक या कार्यक्रमा खातीर त्यांचे विचार आणि सूचना १८००-११-७८०० या टोल-फ्री क्रमांका वरवी सादर करू शकतात. ते नरेंद्र मोदी एप वा MyGov ओपन फोरमा वरवीय ऑनलाइन त्यांचे मत या महिन्याच्या २४ तारखे मेरेन शेअर करू शकतात.

Gst 20

Next Gen GST सुधारणां करून प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदींच्या सरकारान लोकमदीआशेची उमेद पातळायला. वस्तु आनी सेवा कर दर उणो जाल्यान ताचे विशी उमेदीन सांगपी हे आसा एका गिरायकाचे म्हणणे BYTe

क्रिकेट 20

आयसीसी बायला एका दिसाच्या क्रिकेट विश्वचषकात, श्रीलंकेन काल राती नवी मुंबयत डॉ. डीवाय पाटील स्पोर्ट्स अकादमी हंगा खेळताना बांगलादेशाचो ७ धावड्यांनी पराभव केलो.

वेदर 50

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 33. डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता . अशे वेधशाळेन कळीत केला